# ड्रोन, यूएव्ही हुबोवपाक बंदी

ता. 3 जानेवारी 2026

दक्षीण गोंय जिल्हा न्याय दंडाधिकाऱ्यान 4 जानेवारी दिसा दनपारा 3.30 वरा सावन ते 5 जानेवारी 2026 दिसा दनपारा 1.00 वरा मेरेन दाबोळी विमानतळ, आयएनएस हंसा मेस, गोवा शिपयार्ड लिमिटेड आनी कुठ्ठाळी ते स्वतंत्रपथ वास्को आनी बिर्ला क्रॉस ते वरुणपुरी वटेन वचपी राष्ट्रीय महामार्ग क्रमांक 566 च्या 2 कि. मी. वाठारांत खंयच्याय प्रकारचे मनीस विरयत हवाई वाहन (यूएव्ही) / ड्रोन हुबोवपाक वा चलोवपाक बंदी लागू केल्या. मानादीक रक्षा मंत्री 4 आनी 5 जानेवारी दिसा गोंयच्या भेटीर येवपाचे आसून सुरक्षा वेवस्था लक्षात घेवन हो आदेश जारी केला.

पुण हो आदेश पुलीस कर्मचारी, सरकारी अधिकारी/एजन्सींक, जे ड्रोनाचो वापर पुराय पणान अधिकृत कर्तव्यां खातीर करपी आसतले, पुण तांणी तांच्या थारावीक सेवा गणवेशात आसपाक जाय आनी तांचे लागी वैध वळखपत्र आनी अधिकृत कारणां खातीर ड्रोनाचो वापर करपाक परवानगी दिवपी लेखी अधिकृत पत्र आसप गरजेचे आसा. ही सूट फकत तेन्नाच लागू आसतली जेन्ना अशें कर्मचारी अधिकृत कर्तव्याचेर आसतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/16

--
---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.